## राष्ट्रीय खबरो 11.12.2025 @ 8.40 AM

मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती मुद्रौपदी मुर्मू आयच्यान दोन दिसांच्या मणिपूर भेटीर आसात.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या परराश्ट्रीय भोंवडे विशीं भाजपान, कॉंग्रेसीन केल्ल्या वक्तव्यांचेर खर टिका केल्या
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी चालू आशिल्ल्या विशेष सखोल पुनरीक्षण (एसआयआर) प्रक्रियेक तेंको दिवन घटनेन वेंचणूक आयोगाक वेंचणूक नोंदी तयार करपाचो एकमेव अधिकार दिला अशें म्हणला
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नवी दिल्लीत इटलीचे उपप्रधान मंत्री आणि परराष्ट्र मंत्री अँटोनियो ताजानीची भेट घेतली.

Prez 180

राष्ट्रपती मुद्रौपदी मुर्मू आयच्यान दोन दिसांच्या मणिपूर भेटीर आसात. हे भेटी वेळार ती राज्यभरांतल्या वेगवेगळ्या औपचारिक आनी उदरगत कार्यावळींनी वांटो घेतली.आयज ती इम्फाळ पावतली आनी तांकां पारंपारीक गार्ड ऑफ ऑनर दितले. उपरांत ती राज्याच्या गिरेस्त खेळां दायजाचें प्रतीक आशिल्ल्या इतिहासीक मापल कांगजेइबुंगाक भेट दितली आनी पोलो प्रदर्शनीय मॅच पळयतली. सांजवेळार इम्फाळांतल्या सिटी कन्वेंशन सेंटरांत मणिपूर सरकारान आयोजीत केल्ल्या नागरी येवकाराक ती हाजीर रावपाची आसात. ती महत्त्वाच्या विकास प्रकल्पांची बुन्याद घालतली आनी जायत्या म्हत्वाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतली.फाल्यां ती इम्फाळांतल्या नुपीलाल स्मारक संकुलाक भेट दिवन मणिपूरच्या धाडसी बायल झुजाऱ्यांक श्रद्धांजली ओपतली. उपरांत ती सेनापतीक वतली आनी थंय भौशीक बसकेंत उलोवप करतली आनी जिल्ह्याचे उदरगतीक चालना दिवपी प्रकल्पांचो बुन्याद घालतली आनी उक्तावण करतली. मजगती २०२५ वर्साच्या मानवी हक्क दिसाच्या कार्यावळीत आणि नवी दिल्लीत दिसपट्ट्या जिणे आवश्यक वस्तू सुनिश्चित करपा वीशीच्या राष्ट्रीय परिषदेत उलयताना राष्ट्रपतींनी भारत असो देश जावपाखातीर

वचनबद्ध आसा जय  मानवी हक्कांचे फक्त  संरक्षणच करनात पूण मानवी हक्कय मनयतात अशें सांगलें..

भाजप मोदि 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या परराश्ट्रीय भोंवडे विशीं भाजपान, कॉंग्रेसीन केल्ल्या वक्तव्यांचेर खर टिका केल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना भाजपाचे प्रवक्ते सुधांशु त्रिवेदी हांणी हि  वक्तव्यां निंदनीय  आसा अशे म्हणलें आनी मोदी अधिकृत भेटी खातीर आनी देशाच्या वावराक लागून परदेशांत वतात अशें सांगलें. कॉंग्रेसीचे  फुडारी आनी लोकसभेंतले  विरोधी फुडारी राहुल गांधी दरेक संसद अधिवेशन उपरांत सुटये खातीर परदेशांत वता असो दावो तांणी केला. दीर्घकाळ सत्तेर उरील्या कॉंग्रेसिक  कर्तव्यनिमित्त परदेश दौरा आणि सुटये खातीर परदेश दौऱ्यातलो फरक खबर आसुंक जाय  अशें त्रिवेदी हानी म्हणले  तशेंच राहुल गांधीन आपल्या भोंवडे वेळार देशाची प्रतिमा मलिन केल्ल्याचो आरोप तांणी केला.

शाह 90

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी  चालू आशिल्ल्या विशेष सखोल पुनरीक्षण (एसआयआर) प्रक्रियेक तेंको दिवन घटनेन वेंचणूक आयोगाक वेंचणूक नोंदी तयार करपाचो एकमेव अधिकार दिला अशें म्हणला. वेंचणूक नोंदींचो खाशेलो खोलायेन नियाळ घेवप ही वेंचणूक आयोगाची एकमेव जापसालदारकी आसा आनी ताचो हेत वेंचणूक नोंदी शुध्द करप अशें तांणी भर दिलो. काल लोकसभेंत वेंचणूक सुदारणे विशीं जाल्ले चर्चेक जाप दितना शाहा हानी हे सांगले. मजगती ‘वंदे मातरम्’ ह्या राष्ट्रगीताच्या DEDSHAव्या वर्धापनदिनानिमित्त आयज राज्यसभेंत मुखावेली  चर्चा जातली. केंद्रीय मंत्री आनी सभाघराचे फुडारी जे.पी. नड्डा हांच्या उलोवपा  उपरांत राज्यसभा वेंचणुकेंतल्या सुदारणां विशीं चर्चा सुरू करतली.

अँटोनियो 50

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नवी दिल्लीत इटलीचे उपप्रधान मंत्री आणि परराष्ट्र मंत्री अँटोनियो ताजानीची भेट घेतली. सोशल मीडिया पोस्टत मोदीं हणी  म्हणाला

की, भारत-इटली इश्टागत आनीक मजबूत जाता जाका लागुन आपल्या लोकांक आणि जागतिक समुदायाक व्हड फायदो जाता. इटली-भारत संयुक्त धोरणात्मक कृती आराखडो २०२५-२०२९ च्या प्रमुख क्षेत्रांमदी अंमलबजावणी खातीर दोनय वटांनी उबारील्या सक्रिय पावलांबद्दल त्यांनी कौतुक केले.

**हयो खबरो तुमी akshvani** **पणजी केंद्रावल्यान आयकतात**

आता मुखवेलयो खबरो

DGCA 60

व्हडा प्रमाणात उड्डाण रद्द आणि कळाव जाल्या उपरांत नागरी विमान येरादारी महासंचालनालयान गुरुग्राम हांगा इंडिगोच्या कॉर्पोरेट कार्यालयात एक समर्पित देखरेख पथक स्थापन केला. एका आदेशात, DGCA न जाहीर केले की उड्डाण कळाव आणि रद्द जाल्यान प्रवाशांची गैरसोय पयस करपाक हे पाऊल उबारला . आठ सदस्यांचो हो पगड फ्लीटची संख्या, क्रू उपलब्धता, वापराची वरा, अनियोजित रजा आणि कॉकपिट आणि केबिन कर्मचाऱ्यां खातीर स्टँडबाय पगड यासारख्या प्रमुख ऑपरेशनल क्षेत्रांचे निरीक्षण करतले.

रेल ८0

भारतीय रेल्वेन 2023-24 वित्तीय वर्सा प्रवाशांची येरादारी परवडपा खातीर 60 हजार कोटी रुपयां परस चड अनुदान दिल्या. लोकसभेंत पूरक प्रस्नाक जाप दितना रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, कि प्रवाशांक दिवपी अनुदान प्रवाशांच्या प्रवासाच्या वट्ट खर्चांतल्यान पंचेचाळीस टक्के आसा. भारतीय रेल्वेचे भाडें संवसारांतल्या सगळ्यांत उण्या भाड्यां मदीं आसा अशें तांणी भर दिलो. शेजारच्या देशां परस भारत आपल्या प्रवाशांक सगळ्यांत सवाय येरादारी सुविधा दिता अशें तानी नदरेक हाडलें.भारतीय रेल्वेंत बायलांचे सुरक्षेक सगळ्यांत चड प्राधान्य दितात अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले . Byte

बेंजामिन 55

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपले  इझ्राएल समपदस्थ  बेंजामिन नेतन्याहू कडेन फोनाचेर उलोवनी केली . ह्या उलोवपावेळार  दोनूय फुडाऱ्यांनी  भारत-इझ्राएल रणनिती भागीदारीक मेळत अशील्ल्या  सातत्यपूर्ण गतीबद्दल समाधान व्यक्त केले आनी परस्पर फायद्या खातीर संबंद आनीक घटमूट करपाची वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो . दोनूय फुडाऱ्यांनी आतंकवादाचो खर निशेध केलो आनी ताच्या सगळ्या प्रकारांक शून्य -सहिष्णुतेच्या दृष्टिकोनाचो  पुनरुच्चार केलो .

Sir 50

विशेष  सघन सुदारणा (एसआयआर)चो दुसरो पवडो  सुरू जालल्या पासून  ५० कोटी श्याणंव  लाखांपरस चड  गणना  फॉर्म वितरित केल्यात आशे वेचणूक आयोगान सांगला  .आतां मेरेन 50 कोटी परस चड फॉर्म डिजिटायज जाल्यात अशें आयोगान सांगलें. वेंचणूक नोंदींच्या एसआयआरचो दुसरो टप्पो 4 नोव्हेंबराक णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रीयशासित  प्रदेशांनी सुरू जालो. हे  विशी आय्कात गोयचे  एक मतदार अनिकेत murgaonkar हांचे  मत byte

क्रिकेट - 60

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज न्यू चंडीगढांतल्या मुल्लनपूर हांगाच्या महाराजा यादवेंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 सर्तींत भारतीय पंगड दक्षिण आफ्रिके आड खेळटलो. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.मुल्लनपूरांतली ही पयली आंतरराष्ट्रीय दादल्यांची क्रिकेट मॅच आसतली. मंगळारा जाल्ल्या मालिकेच्या पयल्या मॅचींत व्हड जैत मेळयल्या उपरांत सूर्यकुमार यादवाच्या फुडारपणा खाला भारतीय पंगड सध्या पांच मॅचींच्या मालिकेंत 1-0 अशी आघाडीर आसा.

Imd 90

भारतीय  हवामान खात्यान मध्य, उदेंत आनी उत्तर द्वीपकल्प भारतांत ह्या सप्तकाच्या निमाणे मेरेन थंड ल्हारांचो अदमास काडला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज आनी फाल्यां अस्तंत मध्य प्रदेश, विदर्भ आनी छत्तीसगडाच्या कांय वाठारांनी थंड ल्हारा चालूच उरतली. फुडल्या दोन दिसांत मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, तेलंगणा, उत्तर अंतर्गत  कर्नाटक आनी उत्तर अंतर्गत  ओडिशा हांगाय अशीच हवामानाची परिस्थिती आसतली. फुडल्या 3 दिसांत महाराष्ट्रांतलें उण्यांत उणें तापमान ल्हव ल्हव 2 ते 3 अंश सेल्सियस उणें जावपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती मुद्रौपदी मुर्मू आयच्यान दोन दिसांच्या मणिपूर भेटीर आसात.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या परराश्ट्रीय भोंवडे विशीं भाजपान, कॉंग्रेसीन केल्ल्या वक्तव्यांचेर खर टिका केल्या
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी  चालू आशिल्ल्या विशेष सखोल पुनरीक्षण (एसआयआर) प्रक्रियेक तेंको दिवन घटनेन वेंचणूक आयोगाक वेंचणूक नोंदी तयार करपाचो एकमेव अधिकार दिला अशें म्हणला
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  नवी दिल्लीत इटलीचे उपप्रधान मंत्री आणि परराष्ट्र मंत्री अँटोनियो ताजानीची भेट घेतली.

**आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय khabrapatr तुमका aykunk मळतले सांजेच्या स् वरा तीस मिंटनचेर नमस्कार**